Aakashvani Panaji National news 8.40 am 27th dec 2025

मुर्मू 80

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी नवी दिल्लीत वीर बाल दिसानिमित्त प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार प्रदान केले. या वर्सा १८ राज्य आणि केंद्रशासित प्रदेशातल्या २० भुरग्यांक उत्कृष्ट कामगिरी केल्याबद्दल पुरस्कार प्रदान केले. यावेळार उलयताना राष्ट्रपतीनी म्हणले की, हे पुरस्कार विजेत्यांक प्रोत्साहन दितले आणि देशभरातल्या मुख्यांक प्रेरणा दितले.**BYTE AWARDS** पुरस्कार विजेत्यांनी शौर्य, कला आणि संस्कृती, पर्यावरण, नवोपक्रम आणि विज्ञान आणि तंत्रज्ञान या सयत वेगवेगळ्याक्षेत्रात असाधारण योगदान दिला, असे राष्ट्रपती मुर्मू यांनी नमूद केले. **Byte. CHILDREN**

नरेंद्र मोदी 100

आपले सरकार जीवनमान सुलभ करपाक वचनबद्ध आसा आणि येवपी काळात सुधारणांचो मार्ग आनीक नेटान सुरू उरतलो अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला. सोशल मीडियार MyGovIndia ची पोस्ट शेअर करताना, मोदीनी २०२५ त प्रशासनात स्पष्ट बदल कसो झाला हे अधोरेखित केले, सुधारणा जटिलतेर न्हय तर परिणामांर केंद्रित आशिल्ली अशे त्यांनी अधोरेखित करून सोपे कर कायदे, जलद विवाद निराकरण, आधुनिक कामगार संहिता आणि गुन्हेगारी मुक्त अनुपालन हाका लागुन नागरिक आणि व्यवसायां खातीर संघर्ष कमी जाला अशे म्हणले **BYTE.**

जी राम जी 50

विकसित भारत: जी राम जी योजनेअंतर्गत, २०४७ मेरेन विकसित भारताचे स्वप्न साकार करपाक गावांनी विकास कामा करतले अशे डीडी न्यूजक दिलया मुलाखतीत, केंद्रीय ग्रामीण विकास मंत्री शिवराज सिंह चौहान यांनी सांगले. विकसित भारत: जी राम जी कायद्या प्रमाण, अर्ज केल्या उपरांत १५ दिसांच्या भितर काम मेळले ना तर अनिवार्य बेरोजगारी भत्ता मेळता हाचेर मंत्र्यांनी उजवाड घालो.**byte**

PM 69

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आनी फाल्यां नवी दिल्लींत मुखेल सचीवांचे पांचवे राष्ट्रीय परिशदेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. काल सुरू जाल्ल्या तीन दिसांच्या

परिशदेचो हेतू राष्ट्रीय उदरगतीच्या प्राधान्यांचेर संरचीत आनी शाश्वत संवादांतल्यान केंद्र-राज्य भागीदारी घटमूट करपाचो आसा. परिशदेंत 'विकसित भारता खातीर मनीस भांडवल' ह्या विशयाचेर लक्ष केंद्रीत केलां, तातूंत राज्यां आनी केंद्रीय प्रदेशांनी पाळपाचीं उत्तम पद्दती आनी रणनितींचो आस्पाव जाता. मुखेल सचीव, सगळ्या राज्यांचे आनी संघराज्याचे वरिश्ठ अधिकारी ह्या परिशदेंत वांटो घेतात.

PRES 59 राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन गोंय, कर्नाटक, झारखंड ह्या राज्यांचा चार दिसांच्या भोंवडेर आसतल्यो . राष्ट्रपती आयज सांजवेळा गोंयात वचपाक भायर सरतल्यो . फाल्यां त्यो कर्नाटकांतल्या कारवार बंदरा वयल्यान पाणबुडींतल्यान दर्यांतल्यान भोवंडी कारतल्यो . सोमारा त्यो झारखंडांतल्या जमशेदपूरांत ओल चिकी लिपीच्या शतवार्षिक उत्सवाक हाजीर आसतल्यो , . ओल चिकी लिपी रघुनाथ मुर्मू हाणें १९२५ वर्सा संताली भाशेखातीर तयार केल्ली.

BANGLADESH 42 बांगलादेशांतल्या अल्पसंख्यांक लोकां आड दुस्मानकाय निर्माण जाल्ल्यान भारतान व्हड हुस्को उक्तायला. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी हालींच बांगलादेशाच्या मायमेंसिंग शारांत हिंदू तरणाट्याचेर जाल्ल्या भयानक घडणुकेचो निशेध केला . गुन्यांवकारांक न्यायालयांत हाडपाक जाय अशें तांणी सांगलें.

94 MODI

तरणाट्यांक राष्ट्रनिर्मितीच्या केंद्रांत दवरून तरणाट्यांक सशक्तीकरणाचेर लक्ष केंद्रीत करून नव्या धोरणांची चौकटी सुरू आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत वीर बाल दिवस कार्यावळीक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी , जेन जेड आनी जेन आल्फा देशाक विकसीत राष्ट्र जावपाच्या ध्येयाचा डीकेन व्हरतले अशे म्हणला .प्रधानमंत्री हांणी , काल साहिबजादा, बाबा ज़ोरावर सिंग जी आनी बाबा फतेह सिंग जी हांच्या धैराचो आनी बलिदानाचो देश उगडास करता अशे म्हणले . मुगलांच्या क्रूरपणाचेर ते महान हुतात्मे खंबीरपणान उबे रावून , तांणी धर्मीक कट्टरवाद आनी आतंकवादाचा आड झुजले अशे प्रधानमंत्री मोदी हाणी सांगलें

AMIT SHAH 107

देशभरांत एक समान आतंकवाद विरोधी पंगड (एटीएस) संरचनेची थापणूक करपाचो उलो गृहमंत्री अमित शाहा हानी मारला  आनी राज्य पुलीस महासंचालकांक बेगीन चालीक लावपाचे निर्देश दिल्यात. तांणी , पुराय देशांतल्या पुलिसां खातीर सादारण एटीएस रचणूक, दरेक पांवड्यार आतंकवादी हल्ल्यांक आडावपा खातीर एकसारकी तयारी करपाची संद दिता अशे म्हणले . मंत्री शाह काल नवी दिल्लींत राष्ट्रीय तपास एजन्सी  हांणी आयोजीत केल्ल्या दोन दिसांच्या 'आतंकवाद विरोधी परिशदेचें-2025' उक्तावण केल्या उपरांत उलयताले. एकसारकी रचणूक, देशभरांतल्या दरेका पांवड्यार प्रमाणीत तयारी आनी प्रतिसाद यंत्रणा सुनिश्चीत करतली अशें तांणी सांगलें.

KERALA 76

केरळांत 41 दिसांच्या मंडल वृथमांतलो सगळ्यांत शुभ विधी, मंडल पूजा आयज सबरीमाला श्री धर्म सास्थ देवळांत जातलो. ह्या सुवाळ्याचो एक भाग म्हूण देवतेक थांगा आंकी म्हळ्यार भांगराचो भेस आनी उपरांत खाशेली प्रार्थना जातली. त्रावणकोर देवस्वोम मंडळान गर्दी वेवस्थापन, सुरक्षा, वैजकी सेवा आनी यात्रेकरुं खातीर सुविधां खातीर विस्तारान वेवस्था केल्या. मंडला पूजा काळांत दर्शनाचें नियंत्रण आभासी रांक प्रणाली वरवीं जाता.

ANNAPURNA 80

बायलां सशक्तीकरण आनी बाल विकास मंत्री अन्नपूर्णा देवी हाणी  ,भुरग्यांक विकसित  भारताचे फुडार आनी निर्माते अशे म्हणला . नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार  फावो जाल्ल्या लोकां वांगडा जेवणा सुवाळ्या वेळार प्रसार माध्यमांक मार्गदर्शन  करतना मंत्रीमंडळान भुरग्यांच्या वावराची तोखणाय केली. देशभरांतल्या सगळ्या भुरग्यांक विकसित  भारताच्या प्रवासांत योगदान दिवचो असो उलो तांणी  मारलो.ह्या निमतान 17 पुरस्कार विजेत्यांचो  तांणी भोवमान केलो.

SYRIA 79

सिरियांत होम्स प्रांतांतल्या अलवी मशिदींत स्फोट जाल्ल्यान आठ जाणांक मरण आयलें आनी 18 परस चड जखमी जाले. राज्य खबरां एजन्सी साना हांणी दिल्ले

म्हायती प्रमाण शुक्रारा नमाजा  वेळार होम्साच्या वाडी अल-दहाब वाठारांतल्या इमाम अली बिन अबी तालिब मशिदीचेर हल्लो केल्लो. सुरवातीच्या तपासांतल्यान मशिदी भितर लायिल्ल्या स्फोटक उपकरणांक लागून हो स्फोट जाला अशें दिसून येता.

JAPAN 99

जपानाच्या मंत्रीमंडळान फुडल्या वर्सा खातीर अठ्ठावन्न  अब्ज अमेरिकन डॉलर परस चड विक्रमी संरक्षण अर्थसंकल्पीय येवजण मान्य केल्या. अर्थसंकल्पा वरवीं ह्या वाठारांत तणाव वाडत वचत क्रूझ क्षेपणास्त्रां आनी मनीसबळ नाशिल्ल्या शस्त्रागारांनी आपली स्ट्रायक बॅक क्षमता आनी दर्यादेगेवेली संरक्षण घटमूट करपाचो हेतू आसा. चीनान तैवानाचेर कारवाय केल्यार आपल्या देशाचें लश्करी हातूंत घुस्पूंक शकता अशें जपानी प्रधानमंत्री सनाए ताकाइचीन हानी  सांगिल्लें.

IMD -भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन चार दिसांत उत्तर प्रदेशात  दाट धुकें पातळपाचो अदमास उक्तायला .बिहार, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, पंजाबात  अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.

SPORTS- बायलांच्या क्रिकेटांत काल रातीं तिरुवनंतपुरमांत जाल्ल्या तिसऱ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान श्रीलंकाक आठ विकेटींनी हारयलो